# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईस्टराची परबीं

ता. 2 एप्रिल 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ईस्टराच्या खुशालकायेच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक आनी खास करून क्रिस्तांव भावां-भयणांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, शांतीकायेचे प्रेषीत जेजू क्रिस्ताच्या कीर्तवंत पुनर्जीवनाचो दीस म्हूण ईस्टर मनयतात. जेजू क्रिस्ताक खुरसार मारले उपरांत तिसऱ्या दिसा ते पुनर्जीवीत जालें. ईस्टर हो पवित्र आनी म्हत्वाची परब, जी आस्ता, नवीनीकरण आनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जीणेच्या जैताचे प्रतीक आसा. ईस्टर आमकां दया, भोगसणे आनी श्रध्देच्या मुल्यांचो उगडास करून दिता, जी मुल्यां सलोख्याचो आनी आस्पावीत समाज निर्माण करपाक आवश्यक आसा.

आयच्या ह्या शुभ प्रसंगार आमी जेजू क्रिस्तान दाखयिल्ल्या मार्गार चलपाची आमची कटीबद्दता घट करूया आनी आमकां एकटाय बांदून दवरपी मुल्यांक उचलून धरूया, आनी आमच्या राज्याची प्रगती आनी भरभराटी खातीर प्रयत्न करूया.

ईस्टराची परब सगळ्यांक खुशालकाय आनी बरो आशीर्वाद घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/230

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.